# दिव्यांग विद्यार्थ्यांखातीर शिश्यवृत्ती आनी विद्यावेतन येवजण

ता. 20 ऑगस्ट 2021

गोंयांतल्या विंगड विंगड शाळां, महाविद्यालयां आनी संस्थांनी शिकपी दिव्यांग विद्यार्थ्यांक विद्यावेतन आनी शिश्यवृत्ती दिवपाखातीर समाज कल्याण खात्यावतीन येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

पयली ते आठवी इयत्तेच्या विद्यार्थायांक म्हयन्याक 200/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्यांखातीर विद्यावेतन दितात. इयत्ता 9 वी ते 12 वी वा विद्यापीठ अभ्यासक्रमानुसार तत्सम इयत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्यांक 500/- रूपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक 200/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 75/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

बी. ए., बी.कॉम., बी. एससी., आदी इयत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 650/- रूपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक 270/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 115/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

बी. ई,. बी. आर्क., एमबीबीएस., एलएलबी., बी. एड., वेवसायिक पदविका, अभियांत्रिकी अभ्यासक्रम आनी एमए, एमएससी, एम. कॉम., एलएलएम, एम. एड., च्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 900/- रूपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक 360/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हयन्याखातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्यार्थ्यांक म्हयन्याक 150/- रूपया हे प्रमाण 11 म्हन्याखातीर रिडर भत्तो दितात.

वैजकीय मंडळाच्या दाखल्याप्रमाण कमीत कमी 40 टक्के आनी त्या परस चड टक्के दिव्यांग आशिल्ले, पयलीच्या वर्सुकी परिक्षेत कमीत कमी 40 टक्के आनी त्यापरस चड गुण मेळिल्ले, पालकांची वर्सुकी येणावळ 1,50,000/- रूपया परस चड नाशिल्ले आनी समाज कल्याण खात्याचे वळखपत्र आशिल्ले विद्यार्थी ह्या येवजणेखातीर पात्र आसात. मान्यतायप्राप्त शिक्षण मंडळ वा विद्यापिठातल्यान संगीत आनी वेवसायिक अभ्यासक्रमाचे शिक्षण घेवपाकय शिश्यवृत्ती दितात.

विहित नमुन्यातले शिश्यवृत्ती आनी विद्यावेतना खातीरचे अर्ज संबंदीत शाळां, महाविद्यालयां, संस्थां प्रमुखांच्या शिफारसीसयत ता. 31 ऑक्टोबर 2021 मेरेन संचालनालयाच्या कार्यालयांत सुपूर्द करपाक जाय.

चड म्हायतीखातीर दिव्यांग सबलीकरण विशेश अधिकारी, फोन. न. 0832-2232257, 2223784 चेर संपर्क करचो वा socialwelfaregoa@rediffmail.com ह्या ई-मेलाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/714

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji